**Panaji National Bulletin 3rd October 2023-8.40 Am**

०३-१०-२०२३

सकाळी : ८.४०

**मुखेल खबरो**

-प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज छत्तीसगढ़ आनी तेलंगणात 26 हजार कोटीपरस चड मोलाचे जायते उदरगत प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित करतले.

-दिल्ली पुलिसांच्या स्पेशल सेलान आयएसआयएसचो दुबावीत आतंकवादी शाहनवाजा हाका काल दक्षिण दिल्लीच्या जैतपूरांतल्यान केली अटक.

-मुखेल वेचणूक आयुक्त राजीव कुमार हांच्या फूडारपणाखाला वेचणूक आयोगाचे पथक फुडल्या तीन दिस तेलंगणातल्या वेचणूकेच्या तयारीचा नियाळ घेतलो.

तेलंगणा सरकारान राज्य सरकारी कर्मचाऱ्यांच्या नव्या वेतनश्रेणीखातीर दुसरी वेतन संशोधन समिती PRC ची स्थापना केल्या.

आशियाई खेळा सर्तेत भारताची पीव्ही सिंधू आनी एचएस प्रणॉय तांच्या एकोड्या गटात आपापल्या मोहिमेक सुरुवात करतले. भारताची पदक संख्या पावली ६० चेर.

**PM - Chattisgarh Telangana 105**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज छत्तीसगढ़ आनी तेलंगणाक भेट दितले. मोदी छत्तीसगडांत 26 हजार कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित करतले आनी बुन्याद घालतले. बस्तर जिल्हयांतल्या नगरनार हांगा आशिल्लो एनएमडीसी स्टील लिमिटेडचो स्टील प्लांट ते समर्पित करतले. हो तिख्या प्लांट हो ग्रीनफील्ड प्रकल्प आसून तातूंतल्यान उच्च दर्जाचें तिखें

तयार जातलें. प्रधानमंत्री आंतागढ आनी तारोकी हांचे मदीं नवो रेल्वे मार्ग आनी जगदलपूर आनी दंतेवाडा मदीं रेल्वे मार्ग दुहेरीकरण प्रकल्पाचे लोकार्पण करतले.

सांजवेळार प्रधानमंत्री तेलंगणाच्या निजामाबाद शारांत पावतले आनी थंय वीज, रेल्वे आनी भलायकी या सारक्या म्हत्वाच्या क्षेत्रांतल्या सुमार आठ हजार कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचो बुन्याद घालतले.

**आतंकवादी अटक दिल्ली**

दिल्ली पुलिसांच्या स्पेशल सेलान आयएसआयएसचो दुबावीत आतंकवादी शाहनवाजा हाका काल दक्षिण दिल्लीच्या जैतपुरांतल्यान अटक केल्या. एनआयए ताच्या सोदात आशिल्लो आनी ताचेर तीन लाख रुपया इतले इनाम घाल्लें. शाहनवाजा सयत आनीक दोगा आतंकवाद्यांकय अटक केल्या.

शाहनवाजाच्या लिपपाच्या सुवातेर पाकिस्तानातल्या संचालकांनी धाडिल्ली बॉम्ब तयार करपाच साहित्यां आनी हेर आक्षेपार्ह साहित्य ताब्यात घेतला अशें दिल्ली पुलीसांचे खाशेले आयुक्त एचएस धालीवाल हांणी सांगले. सुरवातीच्या चवकशे वेळार या लोकांनी दक्षिण भारता सयत हुबली, धारवाड आनी गुजरातांतल्या अहमदाबाद शारांनी आपली लिपपाच सुवाती स्थापन करपा खातीर रेकी केल्ल्याचैय उक्ताडार आयलां अशेंय तांणी सांगलें.

पुलिसांनी दिल्ले म्हायती प्रमाण काल या तिगांय दुबावीत आतंकवाद्यांक न्यायालयांत सादर केल्ले. ताका सात दीस पुलिसांच्या ताब्यांत धाडला.

**तेलंगणा वेचणूक नियाळ ६०**

मुखेल वेचणूक आयुक्त राजीव कुमार हांच्या फूडारपणाखाला वैचणूक आयोगाचे पथक फुडल्या तीन दिस तेलंगणातल्या वेचणूर्कच्या तयारीचा नियाळ घेतलो. ह्यावेळार हो पंगड आयज राजकी पक्ष आनी अमलबजावणी संस्थांबरोबर बसका घेतले. आयोगाच्या या पथकाक फाल्या जिल्लोधिकारी आनी पोलिस

अधीक्षकांकडल्यान वेचणुकेच्या तयारीची माहिती मेळटली. दौऱ्याच्या निमण्या दिसा आयोगाचे पथक राज्याचे मुखेल सचिव आनी पोलिस महासंचालकांची बसका घेतले. तेलंगणात या वर्साच्या निमाणेकडेन विधानसभा वेचणुक जातली.

**उप राज्यपाल ९०**

जम्मू आनी काश्मीरचे उप राज्यपाल मनोज सिन्हा हांणी काल श्रीनगरातल्या संस्कृती महोत्सवात वांटो घेतलो. ह्या कार्यावळीत कर्नाटकातली मुखेल लोकनृत्या सादर जाली. आपल्या अभिभाषणात उपराज्यपालांनी कर्नाटकातल्या कलाकारांक जम्मू आनी काश्मीरात येवकार दिलो आनी भारतीय संस्कृतीच्या विविधतायेक ऊर्जा दिवपाखातीर जम्मू कला आल संदली अकादमीच्या आनी काश्मीर अकादमी ऑफ आर्ट्स अँड कल्चरच्या यत्नांची तोखणाय केली. सांस्कृतिक विविधता लोकप्रिय करप आनी तरनाट्यांक देशातल्या अद्भूत कलाकृतींकडेन जोडप हो आमचो मुखेल हेत आसा, अशें हेवेळार उपराज्यपालानी सांगले. अशें सांस्कृतिक कार्यक्रम हे एक भारत, श्रेष्ठ भारताचे बेसबरे उदाहरण आसा आनी ते समाजात शांती, समृद्धी आनी खोस हाडटात, अशेंय तांणी सांगले.

**Narayan Rane – 135**

मुंबईत खादी आणि ग्रामोद्योग (KVIC) तर्फे आयोजित 'खादी महोत्सवा'चे उद्घाटन केंद्रीय सूक्ष्म, लघु आणि मध्यम उद्योग विभागाचे मंत्री नारायण राणे हांच्या हस्तुकी काल जाले. नारायण राणे हांणी मेळाव्याक संबोधीत करतना खादी आणि ग्रामोद्योग हांच्या हालींच्या वर्सांत केलल्या भरीव वाढीकडे लक्ष वेधून करत आशिल्ल्या प्रशंसनीय कार्याचे कौतुक केले. 2014-15 वर्सा केव्हीआयसीची वेवसायीक उलाढाल 30 हजार कोटी रुपया जाल्ली, जी ते उपरांत प्रभावीपणान एक लाख चौतीस हजार कोटी रुपया मेरेन वाडल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें.

'खादी महोत्सव' 31 ऑक्टोबर मेरेन जातलो. तातूंत खादी उत्पादनां दाखयतलेच आनी देशी उत्पादनांचो प्रचार करपा खातीर 'व्हॉकल फॉर लोकल' प्रदर्शनांचोय आस्पाव जातलो. ह्या काळांत गिरायकांक खादी उत्पादनांचेर 20 ते 25 टक्के सूट घेवंक मेळटा. तशेंच ह्या महोत्सवांत तरणाट्यां खातीर जिंगल सर्त आनी खादी आनी ग्रामोद्योग विशयांचेर केंद्रीत व्हिडियो गेम सर्त सुरू आसा.

**PM RAJASTHAN 120**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राजस्थानांतल्या चितोडगडांत करणी राष्ट्राक समर्पत करून सुमार 7 हजार कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांची बुन्याद घाली. मेहसाणा भटिंडा - गुरुदासपूर गॅस पाईपलाईन समर्पित केली जी रुपयांची आसा सुमारे 4500, चित्तोडगड नीमच रेल्वे लाईन आणि कोटा चित्तोडगड विद्युतीकृत रेल्वे लाईनच्या - दुहेरीकरणाच्या प्रकल्पां सयत प्रधानमंत्री रेल्वे प्रकल्प राष्ट्राक समर्पित केले प्रधानमंत्र्यानी स्वदेश दर्शन येवजणे खाला नाथद्वारांत विकसीत केल्ली पर्यटन सुविधा समर्पीत केली. मागास वाठारांची उदरगत करप है आपल्या सरकाराचे प्राधान्य आसा. देशांतले आकांक्षी 6 जिल्हे सरकारान वैधून काडल्यात, जय उदरगतीची कामां जातात अशें कायक्रमा० तांणी सांगलें. हे येवजणे खाला राजस्थानांतल्या जायत्या जिल्हयांचीय उदरगत सुरू आसा अशें तांणी सांगलें. आतां सरकारान है येवजर्णेत एक पावल फुडें व्हरून आकांक्षी ब्लॉकांच्या विकासाचें काम हातांत घेतला अशें तांणी सांगलें. हाचे आदीं प्रधानमंत्र्यानी चितोडगढ लागसारच्या सांवरिया सेठ देवळांत प्रार्थना केली.

**PM MP 150**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज मध्य प्रदेशांतल्या ग्वालियरांतल्यान सुमार 19 हजार नशे कोटी रुपयांच्या मोलाच्या जायत्या उदरगतीच्या उपक्रमांची बुन्याद घाली you our आनी राष्ट्राक समर्पित केली. तशेंच सुमार ११ हजार आशे पंच्याण्19 ८९५ कोटी रुपया खर्चून विकसित केल्लो दिल्ली-वडोदरा

द्रुतगती मार्ग ताण । राष्ट्राक समर्पित केलो. तशेंच एक हजार 880 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या पांच वेगवेगळ्या रस्त्या प्रकल्पांची बुन्याद घाली.

प्रधानमंत्री आवास येवजण ग्रामीण खाला बांदिल्ली - दोन लाख वीस हजार सुमार 2.2 लाख घरा आनी प्रधानमंत्री आवास येवजण- एकशेचालीस शहरी खाला सुमार 140 कोटी रुपया खर्च करून एक हजार तीनशे पंच्चास • बांदिल्ली 1355 परस चड घरांय मोदी हांणी समर्पित केली. प्रधानमंत्र्यानी ग्वालियर आनी श्योपूर जिल्हयां खातीर एक हजार 530 जीवन मिशन प्रकल्पांची कटी रुपयां परस चड जेल बुन्याद घाली.

प्रधानमंत्र्यानी ग्वालियर, विदिशा, बैतुल, कटनी, बुरहानपूर, नरसिंहपूर, दमोह आनी आगर माळवा हांगाच्या क्रिटिकल केअर युनिटी, आयआयटी इंदौराची शिक्षणीक इमारत समर्पित केली आनी हॉस्टेल सयत कॅम्पसांतल्या हेर इमारतींची बुन्याद घाली. बुनयाद घालो. तशेंच अटल बिहारी वाजपेयी दिव्यांग खेळां प्रशिक्षण केंद्र, ग्वालियर • राष्ट्राक समर्पित केलो.

**PRC तेलंगणा - ११०**

तेलंगणा नव्या सरकारान राज्य सरकारी कर्मचाऱ्यांच्या वेतनश्रेणीखातीर दुसरी वेतन संशोधन समिती PRC ची स्थापना केल्या. मुखेलमंत्री के चंद्रशेखर राव हांणी काल हैदराबादेत हो निर्णय जाहीर केलो. या दोन वांगड्यांच्या समितीत भारतीय प्रशासकीय सेवेचे निवृत्त अधिकारी एन शिवशंकर हांची अध्यक्ष म्हूण तशेच बी रमैया हांची वांगडी म्हूण नियुक्ती केल्या. राज्याच्यो मुखेल सचिव शांती कुमारी हांणी काल याविशी आदेश जारी केले. या समितीक ६ महिन्यांत अहवाल सादर करपाक सांगला. याविशीची समिती तेलंगणा आनी हेर राज्य आनी केंद्र सरकारी कर्मचाऱ्यांच्या सद्याच्या वेतनश्रेणीचा विचार करतली. ही समिती राज्याच्या महसुलातली वाड आनी वर्तमान तशेच भविष्यातली गुंतवणूक, उदरगत कार्यावळ आनी कल्याणकारी येवजणांविशीची बांधिलकी हांचोय अभ्यास

करतली. हेआदी राज्यातल्या सरकारी कर्मचाऱ्यांक पाच टक्के अंतरिम मजतीची रक्कम दिवपाची घोषणा सरकारान केल्ली.

**PM E-auction – 95**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां मेळिल्ल्या भेटवस्तू आनी स्मृतिचिन्हांचो ई-लिलाव काल सोमारा सावन सर्वसामान्यां खातीर उक्तो जाला. 31 ऑक्टोबर मेरेन बोली चालू उरतली. या लिलावातून जमा जावपी रक्कम पवित्र गंगा नदीचे पुनरुज्जीवन करपाहेतान नमामि गंगे प्रकल्पाक दान करतले. लिलावाच्या या 5व्या आवृत्तीत 100 रुपयांपासून 65 लाख रुपयांपर्यंतची स्मृतीचिन्हा ई-लिलावाखातीर उपलब्ध आसात. नवी दिल्लीच्या नॅशनल गॅलरी ऑफ मॉडर्न आर्टांत अशा स्मृतिचिन्हांचे प्रदर्शन घडोवन हाडलां. तातूंत १५० वर उल्लेखनीय यादस्तीक आसात, जाका लागून राष्ट्राच्या संस्कृतीक जीवंतपणाची झलक मेळटा. हे प्रदर्शन औदार्य, सद्‌भावना आनी अर्थपूर्ण भेटवस्तू दिवपाची कला मनयतात.

**आशियाई खेळ ८०**

चीनात हांगझोऊ हांगा चलतल्या आशियाई खेळात (9व्या दिसा भारताक तीन रुप्या आनी चार काश्या पदका मेळ्ळी. यासयत, सद्या पदकांची संख्या 60चेर पावला तातूंत 13 भांगरा, 24 रुप्या आनी 23 काश्या पदकांचो आस्पाव आसा. भारत सध्या चौथ्या सुवातेर आसा. भारतीय पुरुष क्रिकेट पंगडान आयज उपांत्यपूर्व फेरीयेत नेपाळ आड आशियाई क्रीडा सर्तेत पदार्पण केला. भारतान कुरुबावलो जिकून पयली फलंदाजी करपाचो निर्णय घेतल बॅडमिंटनात दोन फावटी आशियाई खेळा सतत काश्यापदक जैतीवंत पीव्ही सिंधू आनी एचएस प्रणॉय तांच्या एकोड्या गटात आपापल्या मोहिमेक सुरुवात करतले.